

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय २० ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ ॐ नमो जी गुरू मानससरा । प्रसादवाक्य मुक्ताकरा । अनन्यभक्त मराळनिकरा । थारो चरणां कडेन तुज्याच ॥१॥ व्हड मनाचो तूं दिता आसरो । घालून प्रसाद मुक्तचारो । दिवन सुसेग आलाशिरो । चुकयता खेपो जल्ममरणाच्यो ॥२॥ कितलो तो साई सिद्धाश्रम । दर्शनानूच न्हिवता संवसाराचे श्रम । लागींचो भवभ्रम । चुकयता अविश्रम सांगातान ॥३॥ साई मूळ परमेश्वर । भक्तकामा खातीर साकार । करून माया नटयेचो स्विकार । खेळ्ळो खरोच नट कसो ॥४॥ अशा साईक ध्यानांत हाडुया । खीणभर शिरडी स्थानार वचुया । लक्ष दिवन पळोवया । आरती थंयच्यो दनपारच्यो ॥५॥ दनपारच्या आरतीं उपरांत । येवन मशिदीच्या दारांत । म्हाराज भक्तांक वांटीत । उदी कृपेचे नदरेन ॥६॥ भक्तूय प्रेमान बेगोबेग । साईचरणांक मारीत वेंग । नदरेन नियाळीत तांचें मूख । सुखावताले वर्षावान उदयेच्या ॥७॥ बाबाय भरूनभरून मुठींत । घालताले भक्तांच्या पोशांत । लायताले कपलाक उदयेचें बोट । प्रेम उपाट भक्तां विशीं ॥८॥ ‘‘चल भाऊ चल जेवणाक । चल अण्णा चल, तूं खा रुचीक । चलात सगले चलात आपल्या स्थानाक’’ । सांगीत अशें ते दरेकल्याक ॥९॥ आतां जरी हें दिसपाक कुस्तार । तरीय तें घडटाले एका तेंपार । शिरडी थळांत त्या त्या वेळार । दृढ ध्यानबळान दिसतात ॥१०॥ आसूं, अशें करून ध्यान । आखाण्या कडल्यान मुखनिरिक्षण । प्रेमान घालून लोटांगण । कथा आख्यान चलोवया ॥११॥ फाटल्या अध्यायाचे अखेरेक ।

सांगिल्लें आमी श्रोत्यांक । बाबांनी माध्यम करून वावराडेक । सांगलो श्रुतीचो अर्थ म्हणून ॥१२॥ ईशावास्य–भावार्थबोधिनी । सुरू केल्ली गणुदासांनी । दुबाव येनाच फुडें सद्‌गुरूचरणीं । ओंपली व्हरून शिरडींत ॥१३॥ साई तेन्ना उलयिल्ले जें वचन । तुज्या ह्या दुबावाचें निरसन । करतली काकांच्या घरांतली वावराडीण । वतलो तूं जेन्ना परत थंय ॥१४॥ तेंच सध्याचे कथेचें आख्यान । आतां मुखार चलोवया हांगाच्यान । श्रोत्यांनो आयकात दिवन ध्यान । जातलें आयकप असुदाय ॥१५॥ संस्कृत भास [1]अनभिज्ञां खातीर । ईशावास्य ह्या उपनिषदाचो अर्थ । ओवयांतल्यान पदा पदाचो अर्थ । करचो स्पश्ट एकठांय ॥१६॥ मनांत अशी आस बाळगून । ईशावास्य–भावार्थबोधन । सोंपे सुगम भाशेंतल्यान । आरंभलें गणुदासांनी ॥१७॥ [2]गुढार्थप्रचूर हें उपनिषद । भाशांतर जालें [3]पदप्रपद । जाले बगर भितरलो रहस्यबोध । मेळना खोस मनाक ॥१८॥ चारूय वेदांचें जें सार । तेंच उपनिषदांचें भांडार । हरिगुरूकृपा नासत जाल्यार । भोव कुस्तार मेळपाक ॥१९॥ म्हणीत कोणूय हांव [4]सज्ञान । जमता तसो करून यत्न । करतलों उपनिषदांचें प्रतिपादन । आकलन योग्य तरेन ॥२०॥ तरी तें ना कल्पनेंत पसून घडत । हें तर गुरूकृपे बगर संकश्ट । [5]गुप्तप्रमेय येना हातांत । अडचणी मार्गांत पावला पावलार ॥२१॥ तेंच जो लागता गुरूचरणांक । वचून ताचें संकश्ट लयाक । नदरे मुखारूच आपसूक । सुटावो जाता अर्थ गूढ ॥२२॥ आत्मज्ञानाचें हें शास्त्र । जल्ममरण इत्सा छेदपी शस्त्र । जे नम्र विरक्त मात्र । तेच सत्पात्र स्पश्टीकरण करपाक ॥२३॥ असल्यांचो धरल्यार सांगात । अर्थबोधन जाता खिणांत । बुद्‌दीची आडखळ वचून त्वरीत । जाता स्पश्ट अर्थ गूढ ॥२४॥ ईशावास्य सोंपें करतना ।

१. नकळो आशिल्ले. २. भरपूर गूढ अर्थांचें. ३. पदा पदांचें. ४. गिन्यानी. ५. सिद्ध करपाची गजाल.

दासगणूंचीय अवस्था तशीच तेन्ना । मात साईंची कृपा जाली जेन्ना । अडचण तांची पयसावली ॥२५॥ संस्कृत भाशेचें अल्पज्ञान । तरीय आचार्य विद्यारण्य । वंदून श्रीसाईंचे चरण । ओवी लेखन आरंभलें ॥२६॥ गणुदासांची वाणी दुदाची धार । साईंचो प्रसाद तातूंत साकर । थंयचें म्होंवाळपण अपरंपार । खीण एक आदरा श्रोत्यांनो ॥२७॥ आसूं, हें बोधिनी–दिग्दर्शन । ताचें मर्म कळपाक मूळ ग्रंथ अवलोकन । करात हे म्हजे कथेचें आख्यान । आसा आनीक कितें ते आयकात ॥२८॥ भक्त करतना ग्रंथ वाचन । मेळटालें जेन्ना उतर कठीण । करताले म्हाराज समाधान । उलयनासतना कशे तें पळयात ॥२९॥ होच हे कथेचो हेत । श्रोत्यांक कळचो ताचो भावार्थ । इतलेंच म्हजें मनोगत । आयकात ध्यान दिवन तुमी ॥३०॥ ओवीरुपान विस्कटावणी केली । विद्वानांक ती मान्य जाली । गणुदासांची इत्सा भागली । दुबाव उरलो तरीय एक ॥३१॥ मांडलो तो तज्ञां मुखार । वाद चर्चा केली भरपूर । तरीय जालेंना समाधान भितर । एकल्याच्याय मनाचें ॥३२॥ इतल्यान अचकीत शिरडीक । वच्चें पडलें गणूदासांक । थंयच मागीर आपसूक । जालें निवारण त्या दुबावाचें ॥३३॥ घेवंक गेले साईंचें दर्शन । मस्तकार धरले श्रींचे चरण । सप्रेम साश्टांग करून वंदन । सूखसंपन्न ते जाले तेन्ना ॥३४॥ संतांनी पळोवप कृपेचे नदरेन । संतांनी उलोवप गोड वचन । संतांचें तें सुहास्य [१]वदन । कृतकल्याण तातूंत भक्तांचें ॥३५॥ संतांच्या फकत दर्शनान पसून । जाता सकल दोशांचें [२]क्षालन । जांकां तांचें नित्य [३]सन्निधान । कितले ते व्हड भाग्याचे ॥३६॥ ‘‘कितें गणू, कशें येवप जालें । आसा न्हय कुशल सगळें’’ । बाबांनी खबर घेत विचारलें । चित्त प्रसन्न सर्वदा ॥३७॥ गणूदासान दिलें उत्तर । तुमची

---

१. हांसतें मूख. २. धुवप. ३. सांगात, वांगड.

कृपा आसत जाल्यार । कित्याक हांवें भियेवचें तर । पूर्ण खुशाल आसां हांव ।।३८।। तुमीय हें सगलें जाणटात । तरीय उपचार म्हूण विचारतात । हांवूय जाणटां हें मनांत । खबर कित्याक घेतात तुमी ।।३९।। तुमीच करपाक लायतात सुरवात । मागीर मुखार ती येतकूच रंगांत । मदींच अशी एक गुगली घालतात । अर्थबोध जायना तिचो कोणाक ।।४०।। अशे तरेन चलतालें तांचें भाशण । गणुदास पांय दामताले हातान । ईशावास्य–भावार्थबोधन । संबंदीत प्रस्न विचारलो ।।४१।। ईशावास्य–भावार्थबोधिनी । बरोवपाक गेल्यार आडखळटा लेखणी । मन भरता दुबावांनी । बाबा तुमीच सांगचो अर्थ तांचो ।।४२।। अशे तरेन घडलो जो जो प्रकार । केलो बाबांच्या पांयांचेर सादर । दुबाव जो निवारप कुस्तार । मांडलो मुखार बाबांच्या ।।४३।। गणुदासान मागलें साईनाथा । ग्रंथपरिश्रम म्हजे [1]वृथा । ही ह्या ईशावास्याची कथा । तुमी सगलें जाणटात ।।४४।। दुबाव जर पयस जालोना । ग्रंथाचो ह्या उलगडो जायना । म्हाराजांनी उतर दिलें तेन्ना । करूं नाका चिंता कसलीच ।।४५।। ‘‘कितें रे आसा हातूंत कठीण । वतकूच आयिल्ले सुवातेर परतून । त्या काकांची वावराडीण । दुबाव करतली पयस तुमचो’’ ।।४६।। काका ते भाऊसाहेब दीक्षित । बाबांचे एक प्रेमळ भक्त । काया वाचा मनान सतत । व्यस्त गुरूचे सेवेंत ।।४७।। नामनेचें मुंबय शार । थंयच्यान थोड्याशा अंतरार । पार्ले नांवाच्या गांवा भितर । रावतात हे हरिभाऊ ।।४८।। खरें नांव तांचें हरी । आवयन बापायन दवरिल्लें जरी । लोक म्हणटाले भाऊसाहेब तरी । बाबांचें मात तिसरेंच ।।४९।। [2]महाजनींक व्हडले काका । [3]निमोणकरांक म्हातारे काका । भाऊसाहेबांक लंगडे काका । म्हणटाले बंब्या काकाय ।।५०।। आवय

---

१. व्यर्थ. २. काका महाजनी. ३. नानासाहेब निमोणकर.

बापूय दवरतात एक । राशीचें तें आसता आनीक । टोपणनांवानूय उलो मारतात । रीत ही तरातरांची ।।५१।। म्हाराज दवरीत नांवां तरेकवार । तींच चलतालीं वेळावेळार । मागीर बिरुदावली तीच मुखार । लोक मोगान धरताले ।।५२।। केन्ना भिक्षू केन्ना काका । बाबा उलो मारीत तांकां । त्याच नांवान मागीर तांकां । वळखूंक लागले लोक शिरडींत ।।५३।। अजाप दिसलें गणूदासांक । अजाप सगल्यांच्या मनाक । कितें असो काकांचे वावराडेक । कळटलो करपाक उलगडो ।।५४।। वावराडीण ती वावराडीण । आसतलें कितलें तिचें शिक्षण । अशें कितें तरी तिच्यांत विलक्षण । दिसलें अजापीत हें सगलें ।।५५।। खंय श्रुतीची अर्थव्युत्पत्ती । कितली ते वावराडेची मती । बाबा करतात फकांडां तुमचीं । लोक अशें म्हणटाले ।।५६।। बाबा निखटे विनोद करतात । अशेंच दिसलें पयलीं सगल्यांक । पूण बाबांच्या त्याय विनोदांत । सत्यताय दिसली गणूदासांक ।।५७।। साईंचीं तीं उतरां आयकून । साई उलयले सहजतायेन । अशेंच जालें सगल्यांचें मन । होलमलें सत्य दासगणूंक ।।५८।। साई उलयले सहजपणान । पूण त्या उतरांतलें खरेपण । प्रत्यक्ष दिसचें म्हणून । लागली उमळशीक सगल्यांक ।।५९।। आसूं वा नासूं विनोदी उतर । केन्नाच तें नासतलें कारणा बगर । बाबांच्या उतरांचें एकेक अक्षर । आसतालें खण अर्थाची ।।६०।। बाबा जें जें उलयत । उतरां न्हय तीं, ब्रह्मलिखीत । अक्षर पसून नासतलें व्यर्थ । दाखयतलें कार्यार्थ वेळारूच ।।६१।। ही दृढ भावना दासगणूची । आसूं कशीय ती हेरांची । निश्ठा जंय जशी जाची । फळ ताका तशेंच ।।६२।। जशी भावना तशें फळ । जसो विस्वास तशेंच बळ । अंतस्कर्ण जितलें प्रेमळ । बोधूय निर्मळ तितलोच ।।६३।। ज्ञानियांचो शिरोमणी । फट नासली तांची वाणी । आपल्या भक्तांची पूर्ण करची मागणी । ब्रीद हें चरणीं बांदलें ।।६४।। फट न्हय केन्नाच

गुरूवचन । आयकात ही कथा मन लावन । संवसारताप सगले सोंपून । लागतले साधनपंथाक ॥६५॥ गणूदास गेले पाल्र्याक परत । काकासाहेब आसले तेन्ना घरांत । उमळशीक तांची वावराडीण कशी करीत । अर्थबोध उपनिषदाचो ॥६६॥ दुसऱ्या दिसा फांतोडेर । गणूदास आसतना हांतरुणार । साकरन्हिदेचे खोसये भितर । घडलें तेन्ना तें अजाप ॥६७॥ कोणा एका कुणब्याचे धुवेन । गायन चलयिल्लें म्होंवाळ वाणयेन । तिचे एके नकसूद लकेरीन । जाले जागे गणूदास ॥६८॥ दीर्घ आलापान तें गायन । तातूंत मंजूळ पदबंधन । आयकून तल्लीन जालें मन । लागले लक्ष दिवन आयकुपाक ॥६९॥ खडबडून जागे जाले । गीतेच्या अर्थबोधांत लक्ष ओडलें । कान दिवन आयकत रावले । धादोसले पूर्ण काळजांतल्यान ॥७०॥ आसुंये हें भुरगें कोणाचें । गायता गंभीर आनी सुरान कितलें । ईशावास्याचें हें कठीण कुवाडें । सांगलें सहज सोडोवन ॥७१॥ आसूं, हीच ती वावराडीण । पळोवया तरी आसा कोण । जिणें असंस्कृत उतरांतल्यान । सांगली श्रुती अर्थखूण ॥७२॥ भायर वचून पळयली । खरीच कुणब्याची धूव आसली । काकांचे मोरयेंत घांसताली । आयदनां गायन करीत ॥७३॥ सोद घेतकूच कळ्ळें सत । आसलो दीक्षितांच्या घरांत । नाम्या नांवाचो नोकर एक । भयण ताची ती आसली ॥७४॥ हीच ती काकांची वावराडीण । पयसावलो दुबाव तिच्या गायनांतल्यान । वेदगायन रेड्यामुखांतल्यान । अशक्य ना संतांक कितेंच ॥७५॥ अशें ते चलयेचें गायन । जालें दासगणूचें समाधान । बाबांच्या फकांडांचेंय महिमान । आयलें कळून सगल्यांक ॥७६॥ कांय जाण म्हणटात गणूदासांक । बशिल्ले आसतना देवपुजेक । काकांच्या घरचे देवाकुडींत । तेन्ना हें गीत आयकलें ॥७७॥ आसूं, तें जशें आसत तशें । अर्थाचें तात्पर्य एकूच अशें । बाबा भक्तांक शिकयताले कशे ।

पळयात अनेक देखींनी ॥७८॥ ''जाग्या वयल्यानूच म्हाका विचारात । बेठेच हांगाथंय कित्याक भोंवतात । इतलो विस्वास बाळगात । इत्सा पूर्ण करतां तुमची ॥७९॥ आसां हांव भरिल्लों सगल्याक । म्हजे बगर ना सुवात आनीक । धांवून येतां भक्तांच्या उल्याक । भक्ती खातीर कसोय केन्नाय'' ॥८०॥ आसूं, तें भुरगें आठ वर्सांचें । कमरेक एक पोरणें पिंजिल्लें । मात केसरी साडयेंत बरें सोबतालें । गायतालें म्होंवाळ आवाजांत ॥८१॥ ''कितलो ते साडयेचो भरजर । कितली तिची देग सुंदर । कितलो आगळो तिचो पदर'' । हातुंतूच ती मग्न गायतना ॥८२॥ खावपाक मेळना पोटभर । जुनेर ना न्हेसपाक बोटभर । तरीय कोणाचे तरी केसरी साडयेचेर । खुशालभरीत तें दिसलें ॥८३॥ पळोवन ताची गरिबीची स्थिती । आनी ताची रंगेल वृत्ती । दासगणूंक काकुळट आयली । सांगलें कितें तरी [१]मोरेश्वरांक ॥८४॥ पळयात हाचें आंग उकतें । दियात न्हय ताका कापड एकाद्रें । नोंद जातली ईश्वराकडें । जातलो पुण्य लाभूय तुमकां ॥८५॥ मुळांतूच मोरेश्वर कृपामुर्ती । वयल्यान दासगणूंची विनंती । सोबीत साडी घेवन विकती । खोसयेन दिली ते चलयेक ॥८६॥ सदांच खावपी जी उश्टें अन्न । तिका मेळचें [२]पंचपक्वान्न । तेन्ना तें भुरगें सुप्रसन्न । जालें साडी ती पळोवन ॥८७॥ दुसऱ्या दिसा न्हेसून साडी । उमेदीन लागलें खेळपाक फुगडी । हेर चलयांक ताणें घालीं फाटीं । खोसये भितर साडयेचे ॥८८॥ मुखार दुसऱ्या दिसा यादीन । दवरली साडी घडी करून । आंगार आदलें जुनेर न्हेसून । वावुरलें तितलेच खोसयेन ॥८९॥ न्हेसलेंना, दवरली सांबाळून । मात तिचें आदलें दैन्य । गणूदासाक तें दिसलें विश्चिन्न । भावनेच्या भिन्नत्वाक लागून ॥९०॥ नवी साडी दवरली घरांत ।

---

१. रा. मोरेश्वर विश्वनाथ प्रधान. २. पांच परखन्नां

पिंजिल्लें न्हेसून लागलें वावराक । तरीय दिसनासलें खिन्न पळोवपाक । परिणाम साडयेचो नासलोच ॥९१॥ असमर्थपणान पिंजिल्लें न्हेसप । तांक आसतनाय तशेंच करप । हाका नांव दैन्य संपन्नपणान मिरोवप । भावना गुणांनी सूखदुख्ख ॥९२॥ हेंच तें गणूदासांचें कुवाडें । अशे तरेन जेन्ना जालें सुटावें । ईशावास्याचें [1]केणें मेळळें । जालो अर्थबोध जाग्यारूच ॥९३॥ ईश्वरानूच जंय व्यापला सगलो । ब्रह्मांडाचो हो पूर्ण पसारो । थंय ताचे बगर मेळना थारो । मानता कोण हो विचार ॥९४॥ [2]तेंय पूर्ण हेंय पूर्ण । पुर्णांतल्यानूच निर्माण जालें पूर्ण । पूर्णांतल्यान काडटकूच पूर्ण । उरतलें पुर्णूच फाटल्यान ॥९५॥ चलयेची गरिबी ईश्वरी अंश । पिंजकी साडी होय ताचोच अंश । दिवपी [3]देय दान हेंय [4]अशेष । एकूच ईश भरिल्लो ॥९६॥ ''हांव म्हजें'' हें पूर्ण सोडचें । अभिमान सोडून सदांच वागचें । त्यागपूर्वक भोग भोगचे । आस धरची न्हय कित्याचीच ॥९७॥ अशी बाबांची अचूक वाणी । अणभव घेतलो अनेकांनी । जीव आसामेरेन सोडिनासतना शिरडी । जनांत विजनांत प्रगट्टाले ॥९८॥ कोणाक मच्छिंदरगडार । कोणाक गांव आसूं वा शार । कोल्हापूर सोलापूर रामेश्वर । इत्शे प्रमाण प्रगट्टाले ॥९९॥ कोणाक आपल्या बाह्य रुपांत । कोणाक जागेपर्णी कोणाक सपनांत । तरातरांनी दिवन दृश्टांत । करीत इत्सापुर्ती भक्तांची ॥१००॥ अशे अणभव एक ना दोन । कितले म्हणून करूं वर्णन । शिरडींत जरी रावतिकेचें स्थान । अचकीत वचत खंयूय ॥१०१॥ पळयात भुरगें हें कोणाचें कोण । क्षुद्र गरीब वावराडीण । केसरी साडयेचेर तिचें तें गायन । आयलें मुखांतल्यान असुदाय ॥१०२॥ दुबाव म्हणून बाबांक विचारची । हे वावराडेन ती सुटावी करची । तीय काकांच्या घरांत आसची ।

१. खड्डो. २. ''ॐ पूर्णमदः पूर्णमिदं पूर्णात् पूर्णमुदच्यते । पूर्णस्य पूर्णमादाय पूर्णमेवावशिष्यते''॥ ३. दिवपाक योग्य. ४. बाकी ना असो.

रचना ही मायावी न्हय जाल्यार कितें ॥१०३॥ आदींच थंय वावराडीण । आसतली हें बाबांक कशें ज्ञान । फुडाराक तिच्याच गायनान । श्रुतीचो अर्थबोध जावचो कसो ॥१०४॥ मात जें घडलें तें घडिल्लें खास । अजापीत गणूदास सामकेच । दुबाव तांचो जाल्लो पयस । जावन ज्ञान ईशावास्याचें ॥१०५॥ दुबाव येवं येता श्रोत्यांक । खटाटोप हो इतलो कित्याक । स्वता बाबांनीच कित्याक । सुटावो करून सांगलोना ॥१०६॥ हें कितें बाबांक अशक्य नासलें । पूण तांचें म्हत्व कळचें नासलें । देव त्या भुरग्यांतूय आसा हेंय सांगलें । अशे तरेन बाबांनी ॥१०७॥ आत्मयाथात्म्य–निरुपण । हेंच सगल्या उपनिषदांचें [1]पर्यवसान । हेंच मोक्षकर्म–[2]निष्कर्षण । गीता अर्थ प्रवचन तें हेंच ॥१०८॥ प्राणी भिन्न आत्मो [3]अभिन्न । आत्मो कर्तृत्व–भोगां वीण । तो ना अशुद्ध पाप–पुण्याचे सुवादीन । कर्म आचरण ना ताका ॥१०९॥ हांव जातीचो उच्च ब्राह्मण । हेर सगल्यांचो नीच वर्ण । मनांत जे मेरेन अशें भेदज्ञान । कर्म आचरण गरजेचें ॥११०॥ हांव कुडी बगर सगल्याक एक । म्हजे वीण ना कोणूच आनीक । हांवूच सकलांचो व्यापक । स्वरुपोन्मूख हें ज्ञान ॥१११॥ पूर्णब्रह्मस्वरूप [4]अच्युत । असो हो जिवात्मो पूर्ववत । केन्ना तरी स्वस्वरुपा [5]प्रत । पावचो ही मोख निश्चीत ॥११२॥ श्रुती–स्मृती आनी वेदान्त । ह्या सगल्यांचो होच सिद्धांत । हीच निमाणी मोख निश्चीत । [6]च्युताक अच्युतपदप्राप्ती ॥११३॥ ‘‘समः सर्वेषु भूतेषु’’ । जे मेरेन मेळना हो स्थितीविशेषु । ते मेरेन न भूतात्मा [7]हृषीकेशु । ज्ञान प्रकाशूं समर्थ ॥११४॥ योग्य कार्यान चित्त शुद्ध । जातकूच जातलो अभेदाचो बोध । शोक मोह असल्यो [8]संसृती विरुद्ध । जातलें सिद्ध तें ज्ञान ॥११५॥ अखिल ब्रह्मांड सचराचर । व्यापता जो ईश परमेश्वर ।

---

1. परिणाम, शेवट. २. सार. ३. भेद करूंक नजो असो. ४. विष्णू. ५. मेरेन. ६. उतरती कळा लागिल्ल्याक. ७. सुखी, खोशी. ८. जल्ममरण.

निश्क्रीय निष्कल जो परात्पर । तो कुडी विरयत सदात्मक ॥११६॥ नामरुपात्मक हें विश्व । भायर भितरल्यान व्यापला हो ईश । तो हांवेंच भरला [१]अशेष । निर्विशेषरूपत्वान ॥११७॥ अस्तु वस्तुता जें निराकार । मायागुणांनी भासता साकार । लोभ्या फाटल्यान हो संवसार । तोच पचपचीत निश्कामाक ॥११८॥ हें यत्किंचीत् भूतभौतीक । जगत् [२]चेतना अचेतनात्मक । ईश्वरूच हो अद्वितीय एक । निर्धार दुबावा विरयत करचो ॥११९॥ जगद्बुद्धीचो हो विवेक । जरी पटलोना पळयात मनाक । तरी हें [३]धनहिरण्य आदीक । मोह तांचो करचो न्हय ॥१२०॥ हेंय घडना जरी । वळखुचें तुमी कर्माधिकारी । जीव आसा मेरेन [४]शतसंवत्सरीं । कर्मूच करीत रावचें ॥१२१॥ तेंय स्ववर्णाश्रम उचीत । सांगिल्ले प्रमाण अनुश्ठाना सयत । अग्नीहोत्र असले नित्य विहीत । चित्त अकलंकीत जाय मेरेन ॥१२२॥ हो एक चित्तशुद्धीचो मार्ग । दुसरो सर्वसंगपरित्याग । हाका हुपिनासतना ज्ञानयोग । कर्मभोगूच फकत ॥१२३॥ ही ब्रह्मविद्या हें उपनिषद । सगल्यांक दिना [५]अधिकारविद । वृत्ती जे मेरेन जालिना अभेद । उपनिषदबोध उतरांचो ॥१२४॥ तरी तोय जावचो पडटा । जिज्ञासू पयलीं तोच मागता । म्हणून बाबांनीय धाडलो परत ताका । वावराडीण सांगतली म्हणून ॥१२५॥ स्वता बाबांनीच जर बोध दिल्लो । जाल्यार येवचो नासलो अणभव फुडलो । 'एकमेव अव्दितीय' जावचो नासलो । कळचें नासलें व्हडपणूय बाबांचें ॥१२६॥ म्हजे बगर आनीक कोण । आसा काकांची वावराडीण । हांवेंच ती दाखयली खूण । सांगलें समजावन ईशावास्य ॥१२७॥ परमेश्वर अनुग्रह [६]लेश । आचार्य अनुग्रह विशेश । नासतना आत्मज्ञानांत प्रवेश । सिद्ध उपदेशूच गरजेचो ॥१२८॥ आत्मप्रतिपादक जें जें

---

१. बाकी उरनासतना, संपूर्ण. २. प्राणसंचार. ३. भांगर. ४. शंबर वर्सां. ५. कोणाचो अधिकार कितें आसा तें जाणपी. ६. अल्प अंश.

शास्त्र । आयकत रावचें तें तेंच फकत । समर्थनीय जें तें हांवूच सगल्याक । म्हजे बगर ना कितेंच आनीक ॥१२९॥ जातकूच आत्मतत्त्वाचें विवरण । तोच हांव आत्मो, न्हय आनीक कोण । हें जाका अभेध अनुसंधान । आत्मोय प्रसन्न ताकाच ॥१३०॥ आसूं, जातकूच आत्मनिरुपण । अशेंच राखतकूच आत्म अनुसंधान । धरतकूच अशीच आत्मताय निच्छलपणान । मेळटलो परमात्मो हाताक ॥१३१॥ फुडलो अध्याय कथा आख्यान । विनायक ठाकूर [1]आदींचें कथन । श्रोत्यांनो करात आदरान श्रवण । जातले परमार्थप्रवण ॥१३२॥ त्योय कथा अश्योच गोड । आयकतकूच भागतले श्रोत्यांचें [2]कोड । महापुरूषदर्शनाची होड । जातली इत्सापुर्ती भक्तांची ॥१३३॥ सूर्य उदेतकूच जे तरेन । काळोख वता विरगळून । तशीच ह्या कथामृतान । जातली माया नानपश्चात ॥१३४॥ अतर्क्य साईंचें महिमान । कोण आनीक करतलो कथन । म्हाका फकत निमताक धरून । स्वताच तें सांगून घेतले ॥१३५॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । ईशावास्य भावार्थबोधनं नांवाचो हो विसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

---

१. रा. विनायक हरिश्चंद्र ठाकूर, बि. ए. हांचे सारक्यांच्यो कथा. २. हौस.